प्रादेशिक खबरो

19.06.2025 @ 7.25 am

रश्मि 45

जून गोंय क्रांती दिसाची शासकीय कार्यावळ पणजे आझाद मैदानाचेर जाली. ह्यावेळार राम मनोहर लोहिया तशेच गोंयच्या मुक्तीलढ्यात आपलो जीव ओपिल्या सुटके झुजाऱ्यांक आझाद मैदानावेल्या हुतात्मा स्मारकाचेर राज्यपाल पी. एस श्रीधरन पिल्लय, मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत, आणि हेर मंत्री आमदार आणि मानेसतांनी आर्गा ओपली. हे वेळार उलयताना मुखेलमंत्र्यान म्हळे

विकसित भारत 2047 ची मोख दवरतना विकसित गोंय 2037 करपाखातीर आता परत एकदा गोंयकारांनी जात, कात, धर्म, राजकारण कडेक दवरुन स्वयंपुर्ण गोंय करपाखातीर मुखार येवचे, गोंयांक आाता डीजीटल आनी तंत्रगिन्यानाचो उपेग करुन सक्षम करपाच्या नदरेतल्यान काम करप गरजेचे आसा अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा. Byte vik 30

उद्देगिक मळावेल्या भागधरकाकडे जाल्या एके चर्चेत गोयातल्या तरनाट्याक रोजगराच्यो सधी मेळचयो म्हण वेगवेगळ्या संस्थाकडे उलयला अशे मुखलमंत्री प्रमोद सावंत हाणी सांगला. Byte emp SHORT

सुशांत 120

एकूण अयशाव्या गोंय क्रांती दिसा निमतान राज्यपाल पी एस श्रीधरन पिल्लाई हांणी असोळणे हांगाच्या डॉ. ज्युलियाव मिनेझिस हांच्या घराक भेट दिवन डॉ. राम मनोहर लोहिया आनी डॉ. ज्युलियाव मिनेझिस हांका आर्गा ओंपली. 18 जून एकुणीसशे शेचाळीसात मडगांवां डॉ. लोहिया हांणी भाशणबंदी कायदो मोडपाचें आंदोलन केलें. ह्या आंदोलनाची तयारी त्या आदी ह्याच असोळणे हांगाच्या डॉ. मिनेझिस हांच्या घरात जाल्ली. त्या दिसा गोंयांत नवी क्रांती सुरू जाली. पूण ही क्रांती सुरू करपाक जसो डॉ राम मनोहर लोहियाचो म्हत्वाचो वांटो आशिल्लो तसोच डॉ ज्युलियांव मिनेझिस हांचोय म्हत्वाचो वांटो आशिल्लो. त्या खातीर तांच्या असाळण्या ह्या जल्मगांवांत गोंय क्रांती दिस सुवाळो राज्यपावंड्याचेर मनोवचो अशी मागणी थळाव्या लोकांनी राज्यपाल श्रीधरन पिल्लई हांचेकडेन केली.ह्यावेळार उलयताना डॉ. मिनेझिस हांच्या वावराक फावो ती मान्यताय मेळची ह्याखातीर आपूण विधानसभेत प्रस्न मांडटलो अशें आमदार सिल्वा हांणी सांगलें.

स्पोर्ट्स 70

तुर्सुनझोडा हांगा जाल्ले फुटबॉलांत 23 वर्सां सकयल्या भारतीय दादल्यांच्या पंगडाक आंतरराष्ट्रीय इश्टागत मॅचींत यजमान ताजिकिस्ताना कडेन 2-3 अशी हार खावची पडली

हॉकी इंडिया मास्टर्स कप 2025 ची पयली मॅच काल चेन्नयांत सुरू जाली. बायलांच्या सर्तींत हॉकी कर्नाटकान हॉकी केरळक 7-0 अशी हार घाली जाल्यार हॉकी महाराष्ट्रान 5-0 अशे जैत मेळोवचे हॉकी हिमाचलाचेर हार घाली. दादल्यांच्या विभागांत हॉकी पंजाबान ले पुडुचेरी हॉकीचेर 3-2 आनी तमिळनाडूच्या हॉकी युनिटान केरळ हॉकीचेर 8-0 अशी मात केली.

तापमान 50

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण कमाल तापमान 31.5 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 25.9 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला . राज्यात सरासरी पावसाची नोंद 18.5 मिलीमीटर जाल्या आणि खुपशा सुव्यतिनि नेटाचो पावस पडपाचो अदमास आसा आणि वारे वराक 45 ते 55 कीलो मिटर वेगान व्हावतले असो अदमास हवामान खात्यान उकतायला